# 1 आनी 2 डिसेंबराक 22 वो राज्य युवा महोत्सव

ता. 6 नोव्हेंबर 2025

खेळा आनी युवा वेव्हार खात्यावतीन 1 आनी 2 डिसेंबर 2025 दिसा कला अकादमी, पणजी हांगा 22 व्या राज्य युवा महोत्सवाचे आयोजन करपात येतले. ह्या वर्सा राज्य युवा महोत्सवाची संकल्पना विसकीत भारत, युवा नेतृत्व अशी आसा.

ह्या महोत्सवात युवा कलाकारांक लोकनाच (पंगड), लोकनाच (सोलो), फोटोग्राफी, कथा लेखन, पोस्टर, पेंटिंग, वक्तृत्व, लोकगीत, लोकगीत (सोलो), फोटोग्राफी, रांगोळी अशां कला प्रकारांत आपली कला-कौशल्य दाखोवपाची संद मेळटली. तशेंच राज्य पांवड्यावयल्या जैतिवंतांक राष्ट्रीय युवा महोत्सव 2026 त राज्याचे प्रतिनिधीत्व करपाची संद मेळटली.

राज्य युवा महोत्सवातल्या सर्तीनीं वाटो घेवपा खातीर युवकांची पिराय 15 ते 29 वर्सां मजगती आसपाक जाय म्हणजे 1 सप्टेंबर 2025 दिसा युवा कलाकाराची पिराय 15 वर्सा सकयल आनी 29 वर्सां परस चड आसपाक जायना. शिक्षणीक संस्थां, युवा क्लब, संगीत संस्थां, नोंदणीकृत युवा पंगड आनी राज्य खात्यांचे पंगड आनी वैयक्तिक युवा कलाकारांची नोंदणी अर्ज, जल्म दाखलो, आधार कार्ड, बँक खात्याची म्हायती 23 नोव्हेंबर 2025 मेरेन https://forms.gle/Zb6rHHjm6Wntkucn9 ह्या लिंकाचेर ऑनलायन धाडपाक जाय. लिंक खेळा आनी युवा वेव्हार खात्याच्या www.dsya.goa.gov.in. ह्या वेबसायटीचेर अपलोड केल्ली आसा.

चड म्हायती खातीर एपीईओ श्री. पांडुरंग नाईक हांचेकडेन 8830681588 ह्या नंबराचेर संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/860

--

---------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.